**भारताच्या फाळणीच्या घटनेवयल्या प्रदर्शनाक युवकांनी भेट दिवपाचो उलो**

ता. 14 ऑगस्ट 2025

भारताच्या फाळणीच्या भयांकृत स्मृती दिसा निमतान काणकोणच्या कदंब बस स्टँडार आयोजीत विशेश प्रदर्शनाचे उक्तावण आयज गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांचे हस्तुकीं जाले. 1947 वर्सा भारताच्या फाळणीच्या वेळार जाल्ल्या घटनांचे आनी परिस्थितीचेर उजवाड घालपी ह्या विशेश प्रदर्शनाक युवकांनी भेट दिवपाचो उलो श्री. तवडकर हांणी ह्या वेळार मारलो.

फाळणीच्या भयांकृत घटनांचेर आदारीत हे प्रदर्शन फाळणी वेळार जीव गेल्ल्या आनी विस्थापित जाल्ल्या लाखांनी लोकांक श्रद्धांजली ओपता. ह्या घटनेच्या परिस्थितीचो इतिहास जाणून घेवपा खातीर युवकांनी प्रदर्शनाला भेट दिवची, अशें तवडकर हांणी सांगलें. म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान आयोजीत केल्ले हे प्रदर्शन 16 ऑगस्ट 2025 मेरेन उकते आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/691

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.